

# रवीन्द्र केळेकारांल्या ललीत निबंदांतली चिंतनात्मकताय

प्रियदर्शिनी तडकोडकार

ललीत निबंद ह्या साहित्य प्रकाराचो विचार करतना जायत्यो मर्यादा गृहीत धरच्यो पडटात. रेने वॅलेक आनी ऑस्टिन वॉरेन हांणी ललीत साहित्याचे तिनूच मुळावे प्रकार मानल्यात, गद्‌य, पद्‌य आनी नाट्य. गद्यांत जे हेर साहित्य प्रकार आसात तातूंत ललीत निबंद हो एक प्रकार. खंयचोय रूढ जाल्लो साहित्यप्रकार आपणालीं साबार लक्षणां निश्चीत करून अभिव्यक्त जायना. ताचे सारक्यो आनीक जायत्यो साहित्यकृती जातकच तो 'प्रकार' म्हूण रूढ जावंक लागता. निबंदाचेंय अशेंच जालां.

निबंद वा ललीत निबंदांत आत्मनिश्ठ बरप आसता. आनी तातूंत उकते जाल्ले अणभव 'हांव'रुपी लेखकाच्याच जिवितांतले आसतात. ते केन्ना आत्मनिश्ठपणान लेखनांतल्यान प्रत्यक्षरुपान जाल्यार केन्ना वस्तुनिश्ठतायेन दुसऱ्या मनशाचो वा पात्राचो आदार घेवन, जाल्यार केन्ना आदर्शवादाचे, उदात्तीकरणाचे प्रेरणेन मनशाच्या मानसीक आविश्कारांतल्यान येतात. देखुनूच आनंद यादव ह्या प्रकाराक हेर साबार साहित्यप्रकारांक व्यापून उरपी प्रकार अशें मानतात आसूं येता.

ललीत निबंद ह्या अर्थान जो साहित्यप्रकार आमी दोळ्यां मुखार आयज हाडटात तो १९५० उपरांत नवसाहित्याच्या काळांत रुढ जाल्लो प्रकार. ताच्या आवाठांत तेन्ना लघुनिबंद, यादी, भोंवडेवर्णन, व्यक्तिचित्रण, ललीत लेख ह्यो साबार तरा येताल्यो. देखून कोंकणींतल्या साबार निबंदांच्या झेल्यांनी हे तरेचे विंगड विंगड तरांचे निबंद आसपाविल्ले मेळटात.

निबंदाच्या आदारान लेखक ताका रुचपी विचार ताचे जिणेंतल्या हेर अणभवां वेल्यान वा हेरांच्या अणभवां वेल्यान तर्जून घेता आनी मांडटा.

१५८० त मॉन्तेन ह्या फ्रेंच बरोवप्यान essai हो प्रकार फ्रेंच भाशेंत रूढ केलो. ताचें लेखन मुक्त, मेकळें आशिल्लें. घडये तशें तें करूंक येवचें देखुनूच हो प्रकार ताणें आपणायलो आसूं येत. ताका जें गंभीरपणान सांगपाक जाय ते सांगपा खातीर हो साहित्यप्रकार ताणें आपणायलो. थंय ताणें निजाकूच रेखाटपाचो यत्न केला. आनी तातूंत उण्या अदीक प्रमाणांत अणभवदर्शन आनी विचार विवरण हांकां मेकळेपणान सुवात दिल्या.

मॉन्तेनाचो समकालीन बेकन हाणें हो प्रकार मुखार इंग्लीशींत हाडलो. तेन्ना ताचें मूळ रुपूच ताणें बदल्लें. विचार आनी अणभवदर्शनाक सारकीच सुवात आशिल्लो मॉन्तेनाचो 'एसाय' ताणें विचारनिश्ठ आनी बंदिस्त करून 'एसे' केलो. देखून तो चड वस्तुनिश्ठ

आनी गंभीर तसोच अलिप्त जालो. अणभवा परस वैचारिकता हाडली देखून 'एसायां'त अणभवदर्शनाच्या आंगान उकती जावपी व्यक्ती येना जाली. हो 'एसे' विचारांचीं संक्षिप्त टिपणां जीं लोकांक वेव्हारांत उपेगी पडूं येत असो जालो.

रवीन्द्र केळेकारांचीं *उजवाडाचे सूर* आनी *आमोरेर* हीं दोनूय 'आप-उकतावणेचीं' पुस्तकां वाचतना म्हाका वेल्या दोनूय बरप्यांचें मिश्रण तांच्या निबंद लेखनांत आनी शैलींत जालां म्हणपाचें जाणवता.

*उजवाडाचे सूर* हें शीर्शकूच कितलें सार्थ आसा पळयात. १९७३ त पयली उजवाडावणी जाल्लो हो झेलो खरो ३० वर्सां आदलो. तेन्ना बरोवप्याच्या जिविताचो उजवाड निकतोच फांकूंक लागिल्लो. ज्या ध्येया खातीर रवीन्द्रबाब तळमळटाले तो ध्यास पूर्ततायेच्या मार्गाक लागिल्लो. तेन्नाचो उजवाड हो मंगल उजवाड. नवी दिका दाखोवपी. ताका सुरांची साथ लाबतकच त्या प्रफुल्ल उजवाडाक, उर्बेक एक खेरितूच मंगलताय लाबता. नवेंपण लाबता. ताचेंच सूचक अशें निर्देशन ह्या नांवा वेल्यान जाता आनी ताचो प्रत्ययूय वाचप्यांक येता. १९७३त उजवाडा आयिल्ल्या ह्या पुस्तकाची दुसरी उजवाडावणी १९९५ त जाली. तेन्ना तातूंतले आदले कांय लेख गाळ्ळ्यात आनी कांय नवे भरशिल्यात. म्हाका मात ह्या पुस्तकाची पयली आवृत्तीच आवडटा.

रवीन्द्र केळेकार हे कोंकणींतले म्हालगडे बरोवपी. ते एक सुटके झुजारी तशेच ध्येयवादी आनी कृतिशील राजकर्णी. तांणी गोंयच्या सुटके झुजांत उत्स्फूर्ततायेन वांटो घेतलो. गांधी जीवनदृश्टीचे समर्थक आशिल्ल्या काकासाहेब कालेलकरांचे साहित्यीक आनी निती जीविताचो प्रभाव तांचेर पडला. पूण रवीन्द्रबाबांची खरेली वळख आमकां मेळटा ती कोंकणीची नीज अस्मिताय जागोवपी, शणै गोंयबाबां उपरांतचे कुशळ भाशाभिमानी म्हूण. पिरायेचीं अंयशीं वर्सां हुपिल्लीं आसलीं तरी ते उदरगतीचे तळमळीन भरून गेल्लें बरप करतात. तांच्या बरपांत सैमाचो मोग पावला कणकणी दिसता. हो तांचेर जाल्लो काकासाहेब कालेलकरांचो प्रभाव अशें म्हणूं येता. तांगेल्या निबंदांतल्यान तांची विद्‌वता, व्यासंग आनी चिंतनात्मकताय दिसता. जिविताच्या वेगवेगळ्या मळां वेले अणभव घेवन भविश्याच्या पोटांत किर्ते लिपलां आनी ताका लागून आमचो समाज खंयचे दिकेन वता हाची अचूक नोंद आनी खर प्रतिक्रियाय ते आपणाल्या बरपांतल्यान मांडटात.

निबंद साहित्य म्हळ्यार एकाद्रे भाशेचो परिणत आविश्कार. बरोवप्यांच्या एकंदर व्यक्तिमत्वाचो तो चिंतनगर्भ आशय आनी आविश्कार, तसो शैलीचोय परिणत आविश्कार अशें साधारणपणान मानतात. *उजवाडाचे सूर* पुस्तकांत आमकां हें दिश्टी पडटा तशें *आमोरेर* ह्या तीस वर्सां उपरांत बरयल्ल्या झेल्यांतूय दिश्टी पडटा. रवीन्द्रबाबांच्या साबार निबंदांनी जिविता कडेन पळोवपाची तांची खाशेली नदर उकती जाता. Personal Essay चो उद्‌देश खासा बरोवप्याकूच चित्रावप हो एक आसता. तातूंतल्यान वाचप्यां कडेन मातशी संवकळ जावन लेखक समाजा विर्शीचें आपणालें चिंतन आनी तत्त्वगिन्यान वाचप्या मेरेन पावोवपाचें, आनी समाजा विर्शी जी जण एकल्याची लागणूक आसता ती जागोवपाचें काम करता. खासा रवीन्द्र केळेकारान चडशें 'लोकांक तिडावपीच' बरप केलां. कारण संस्कृतायेच्या मळार विकृतायेचें रान कापपाचेंय काम करचें पडटा. तें तांणी केलां अशें खासा ते *उजवाडाचे सूर* (दुसरी उजवाडावणी) पुस्तकांत म्हणटात.

ह्या पुस्तकांत लेखकाचें पुराय व्यक्तिमत्व आनी चिंतन नितळ हारशांत दिसचें तशें दिश्टी पडटा. तेच बरोबर ताच्या संवेदनशीळ आनी काव्यात्म मनाचेंय दर्शन जाता. एका विशिश्ट ध्येयान हिमालया सावन कन्याकुमारी मेरेन भोंवडी करतना जे अणभव आयल्यात तातूंतल्यान लेखक संपन्न जायत वाडत गेला. हे वाडीचो वाचप्यांक अणभव दिवपी कांय निबंद ह्या पुस्तकांत आयल्यात. कांय थळांचीं वर्णनां करपी 'घारापुरी', 'बेलूर मठ', 'सैमाचें म्हाकाव्य जोग' सारकेले निबंदूय हातूंत आसात. ललीत निबंदांत एकाद्र्या विशया संबंदान विचार व्यक्त जावपाक तो विशय निमित्तमात्र आसता. तातूंतल्यान 'हांव'च उकतो जाता. आनी ताचें हांवपण विशयाच्या निमतान उकतें जाता. ह्या झेल्यांतले सगळेच लेख वाचप्यांक नवो विचार दिवपी आसात. 'जाण्टेपणांत' ह्या निबंदांत ते म्हणटात, so long as you feel young you are young. जाण्टेपण आनी पिरायेचो संबंद ना अशें सांगतना जाण्टेपण म्हळ्यार धादोसकायेची जीण अशेंय ते सांगतात. कोंकणीक जी सुवात आयज आमच्या जिवितांत मेळ्ळ्या ती तिका जोडून दिवपाक म्हजेंय थोडें भोव हातबोट लागलां हाचें म्हाका समाधान आसा. असलें ध्येयपूर्तीचें समाधान खूब थोड्या लोकांच्या वांट्याक येता. ते म्हज्या वांट्याक आयलां हें हांव म्हजें भाग्य समजतां. असले सुंदर अवस्थेक पाविल्लो मनीस जाण्टेपण आयलें म्हूण खंती कित्याक जातलो?'

'वाराणसी', 'जिवाभावाचे इश्ट', 'सैमाचें महाकाव्य जोग', 'पुनव ओतताली' हे लेख म्हाका खूब आवडल्यात. तातूंतल्यान जिविता कडेन, सैमा कडेन आनी धर्मा कडेन पळोवपाची वाचप्याक एक नदर मेळटा. लेखक जे नदरेन आदीं वाराणसी कडेन पळयतालो तशीच नदर चडश्या जाणांची आसता. ताका लागून धर्मा विर्शीची ओड, श्रद्‌धा, पावित्र्य ह्यो भावनाय ना जायत गेल्यात. अंधश्रद्‌धा वायट, पूण जी भाविकताय, जी प्रेरणा आनी श्रद्‌धा वेगळ्या वेगळ्या वाठारांतल्या मनशांक एकठांय हाडटा तिकाच लागून समाजाचो एकवट तिगून उरता हें लेखकाक कळटा आनी ताची नदरूच बदलता. लेखकाचें हे रुपूय म्हाका सदांच उर्बा दीत आयलां आनी धर्मा कडेन वेगळे तरेन पळोवपाची तांक दिवन गेलां.

*आमोरेर* हेंय बी आपउकतावणेच्याच बरपांचें संकलन. पूण ह्या पुस्तकाची प्रकृती म्हाका *उजवाडाचे सूर* पुस्तका परस वेगळी दिसता. ''शणै गोंयबाबांनी पेटोवन दवरिल्ली दिवली पालवची ना हाची जतनाय घे... दिवलेंत सद्‌दां इल्लें तेल घालीत राव आनी वात फुडें सारीत राव. हें एकूच काम करीत रावशीत जाल्यार एक दीस थंय कोंकणी सरस्पतीचें देवूळ उबें जाल्लें तूं पळयतलो'' काकासाहेबांनी रवीन्द्र केळेकारांक दिल्लो हो आदेश तांणी आयज मेरेन निष्ठेन पाळ्ळा. कोंकणीचें देवूळ उबें जालें. हें देवूळ उबें


जावपाच्या कामांतलो उजवाडाचे सूर एक चिरो कसो. अशे तरेच्या चिऱ्यांची रचणूक जायत गेली आनी जी मोख दवरिल्ली ती साध्य जाली. पूण इतल्यान काम सोंपलें अशें रवीन्द्र केळेकारांनी मानलें ना. तांची लिखणी नवे नवे चिरे घडयत रावली. देवळाक भोंवतणी वंयूय जाय पडटा. वाट जाय पडटा आनिकूय जायतें कितें लागता. *आमोरेर* पुस्तकांतले लेख हे अशे तरेचे.

आपूण कित्या खातीर बरयतां हाची जाप सोदतना रवीन्द्रबाब म्हणटात - "दोन प्रेरणा म्हज्यांत काम करतात. एक सृजनाची. दुसरी एके तरेचे लागणुकेची. सृजनाचे, नवें कितें जल्मा घालपाचे उर्बेन बरयतां... आनी म्हजे भाशेंतलें दैन्य जाता तितलें पयस करपा खातीर, तिची बुन्याद घट करपा खातीर बरयतां". पयलें सृजनाचें काम तांणी हेर साहित्य प्रकारांतल्यानूय केलां. कोंकणी भास आतां 'कुंडेकुस्कूर' उरूंक ना. तिचेर कितलेशेच अलंकार चडयल्यात. आनिकूय चडोवपाची तांक आशिल्ले सर्जनशीळ कलाकार तिचे सेवेक पेंगट बांदून वावुरतात. तांतले चडशे जाण सृजनाची, अभिव्यक्तींची प्रेरणा घेवन बरयतात. समाजाचें प्रबोधन हो तांचो मुखेल उद्देश नासता. पूण रवीन्द्र केळेकार आजुनूय बरयतात तेन्ना तांचे मुखार दुसरी मोख आसता — समाजाचे लागणुकेची. हाका लागून तांचे चडशे बरपावळीक निबंदाचो फॉर्म लाबला. तांच्या मुडा प्रमाण तांगेल्या निबंदाच्या सुराची जाणविकाय वाचप्यांक जाता आनी रवीन्द्र केळेकारांची जिविता कडेन पळोवपाची दृश्टी वाचप्यांकूय अंतर्मुख करता. विचार करूंक लायता. एक विशिष्ट भूमिका घेवन बरयिल्ले हे लेख वाचतकच केन्ना मन प्रसन्न जाता तर केन्ना विषादान, खंतीन भरून वता. आपणाले समाजा कडले लागणुके विशीं विचार करूंक लायता.

समाजां विशीं लागणूक आशिल्ल्यान नव्या समाजाचें रूप पळोवन, ताची वृत्ती पळोवन ते हुसकेतात. तरणे पिळगेचो हुस्को तांकां जाला आनी तिका योग्य दिकेन व्हरपाची नैतींक जबाबदारीय आपल्याचेर आशिल्ले वरी ते बरयतात. तेन्ना 'देश भोंवन पळोवंक जाय' 'हिंदी म्हासागराचो उलो', 'सारे जहाँ से अच्छा', 'अमेरिकेच्यान कितें घेवन आयलो?', 'तुन हुआंग' अशे निबंद आकार घेतात. ते तांचे वेलो कालेलकरांचो प्रभाव अधोरेखीत करतात. ह्या सगळ्या निबंदांतल्यान रवीन्द्र केळेकारांनी समाजाचें — गोंयच्याच न्हय हिंदुस्तानांतल्याय — विदारक वास्तव चित्रण उबें केलां. काळा बरोबर जो चलना तो फाटीं उरता. काळा बरोबर पावलां उखलता तोच फुडें पावता, नाजाल्यार काळा भायरो जाता हें खरें आसले तरी नव्याच्या हावेसान आमी आमचे पूर्व संस्कार विसरूंक फावना. देखून ते म्हणटात, "सुंदर फकत सुंदर आसलें म्हूण उपकारना तें पवित्र्य आसूंक जाय". 'विश्वसुंदरी' ह्या निबंदांत ते म्हणटात, 'सुंदरकाय जेन्ना सतींत देंवता तेन्ना ती हळशीक (अश्लिल) जातां" रवीन्द्र केळेकारांनी जायत्या देशांची भोंवडी आपणाल्या देशाचे बराबरीनूच केल्या. ही भोंवडी तांणी मनाचीं दारां उकतीं करून केल्या. तेन्ना त्या देशांतल्या म्हत्वाच्या सुवातींची वळख ते करतातच पूण थंयच्या ल्हान-व्हड मनशां बरोबर तांचे वृत्तीचेरय उजवाड घालून आपणाली मार्मीक टिपणी करतात. देखून, वचत थंय तांचे मदलो देशभक्त जागो जावन इतिहासांत भोंवून येता. उपरांत तांचे मदलो गोंयकार ल्हवूच आपली तकली वयर काडय. देखून कारवार आनी मुरगांव बंदरां पळयतकच तांच्या मनांत विचार येता, "एकाच राज्यांत हीं दोनूय बंदरां आशिल्लीं जाल्यार अख्ख्या हिंदी म्हासागराचेर आमचो — गोंयकार-कारवारकारांचो शेक सोंपेपणान चलूं येतालो."

'सॉक्रतिश', 'डॉ. लोहिया', 'फादर', हे व्यक्तिचित्रणात्मक निबंद. ह्या व्यक्तींच्या व्हडपणाक रवीन्द्र केळेकारांनी दिल्ली ही मानवंदना. डॉ. लोहिया संबंदीं ते बरयतात, "विद्रोहाक मनशाचें रूप घेवचेंशें दिसलें आनी तो लोहियांचें रूप घेवन आयलो. आमच्या राजकी, आर्थीक, सामाजीक जिवितांत जें जें कितें कुसकें पाडें नश्टें पळेलां






तेन्ना लोहियाच म्हजे मुखार उबे रावल्यात.'' एच.ओ. माश्कारेन्यस हांची नवे तरणे पिळगेक सारकी खबर ना पूण तांच्या कार्याची बेस बरी वळख 'फादर' ह्या निबंदातल्यान जाले बगर रावना.

खरें म्हळ्यार ह्या झेल्यांतलो दर एक निबंद विचारान, आशयगर्भ चिंतनांनी उपाट भरला. ताचेर अशें धांवतें टिपण करप अन्यायाचें. ताचे खातीर भरपूर वेळ आनी विस्तृत विवरण जाय. हें मान्य आसुनूय हो लेख सोंपयतना म्हजीं कांय निरीक्षणां मांडटां —

१) उजवाडांतले सूर पुस्तकांतलें बरप केल्लें तेन्ना रवीन्द्र केळेकार भारताचीच भोंवडी करून आयिल्ले. *आमोरेर* बरोवन जाल्लें तेन्ना तांणी कांय भायले देसूय पळयल्ले. ह्या देशांचेय चित्रण तांणी हांगा केलां. पूण पयल्यांत लालित्य, काव्यात्मता अदीक दिसता, दुसऱ्यांत काव्यात्मक वृत्ती उणावल्ले भशेन दिसता.

२. रवीन्द्र केळेकारांच्या व्यक्तिमत्वाचें चित्रण दोनूय झेल्यांतल्यान प्रभावीपणान जालां. पूण पयल्यांत तें मातशें भावूक आनी संवेदनशील मनाचें चित्रण शें दिसता. दुसऱ्यांतलें चित्रण वैचारीक देखून चड वास्तवनिष्ठ, विदारक आनी तटस्थ जालां शें दिसता.

३. गांधी, लोहिया, कालेलकर हांच्या सांगातान तेन्नाच्या राजकी घडामोडींचें आनी तांच्या आतांच्या समाजकारणाचेर जाल्ल्या परिणामांचें विश्लेशण रवीन्द्रबाबांनी केलां. तेच तरेन गांधीवाद आनी बौद्ध विचारसरणीचीय वळख नव्या वाचप्यांक तितलेच तांकीन दिल्या. हें करतना तांची तटस्थ आनी वस्तुनिश्ठ भुमिका खरायेन जाणवता. तांगेले अणभव वस्तुनिश्ठ विचारांचें रूप घेवन आयल्यात. लेखकाच्या स्वताच्या वास्तवांतलो अणभव हांगा वेगळें रूप धारण करून त्या विशया संबंदांत आपणाले गरजेचे तितलेच अंश घेवन एका नव्याच सौंदर्यानुभवाचो वांटो जावन वाचप्यां मुखार येता.

आपणाक जें कितें सांगपाचें आसा तें गंभीरतायेन सांगून जातकच आपणा कडेन आजुनूय स्फूट रुपांत सांगपा सारकें जायतें आसा, आपणाले अणभव खासा आपणाले आसात आनी आपल्या स्वभावा प्रमाण आपणाच्यान जायतें सांगूं येता हे जाणिवेन लेखकाल्यो मेकळ्यो प्रतिक्रिया प्रसन्न शैलीन आनी सादया, सोप्या उतरांनी ह्या दोनूय झेल्यांनी येतात. वाचप्यांक ते विश्वासांत घेतात. विचारांचें मर्म पटोवन विचार करूंक लायतात. भाशेचे प्रौढतायेची आनी कितली साक्ष आमच्यांनी काडूं येत?